**Āshīrvachana by**
**Parama Pūjya Shrīmat Sadyojāt Shaṅkarāshram Swāmījī**
**at Kārlā on 6th March 2009**

कर्णस्वर्णविलोलकुण्डलधराम् आपीनवक्षोरुहाम्
मुक्ताहारविभूषणां परिलसद्धम्मिलसम्मलिकाम् ।
लीलालोलितलोचनां शशिमुखीम् आबद्धकाञ्चीस्रजम्
दीव्यन्तीं भुवनेश्वरीमनुदिनं वन्दामहे मातरम् ॥

आनन्दाश्रमशिष्याग्र्यं स्वानन्दाम्बुधिमज्जितम् ।
आनन्दाश्रमिणं वन्दे परिज्ञानाश्रमं गुरुम् ॥

ॐ श्रीगुरुभ्यो नमः । श्रीभवानीशङ्कराय नमः । श्रीमात्रे नमः ।

एकु मस्त संतोषु, मस्त खूशी, अश्शि भाव आम्का प्रकट कोर्का म्होणु दिस्ताती, विलक्षण कार्यक्रम सम्पन्न ज़ात्तऽसती. हांगा गुरुचरणी बैसुनु, आम्मी हॉ उत्सवु कॅल्लॉ. Exam time खईं, बारावी चॅ exams च़ल्तऽसती, धाव्वी चॅ exams च़ल्तऽसती, ज़ाल्यारी इत्लीं लोकं आय्लीं... आश्चर्य तावळी. गुरुंगेली एकी आकर्षणशक्ति, तांका दिंव्चेऽच् आस्स, तीं येव्नु दित्ताती, एकेकफांता आपोनु दित्ताती न्हे? हं !

स्वाम्यागेलँ सामर्थ्य, ताज्ज़ॉ अंदाजु लांव्चॅ सुद्दाईं मस्त पुण्य ज़ांव्का, आम्का सग्ळ्यांक कोळुक सूरु ज़ाल्या. आम्मी धन्य. तँ वैं तांगेलँ अनुग्रहानेऽची. तांगेलॅ जॅ संकल्प आस्सती, तॅ सिद्ध ज़ात्तसती म्होणु खूशी ज़ात्ता, आनी तांतु आम्मी सग्ळीं भाग घेत्तऽसती म्होणु तँ आनी खूशी ज़ात्ता. जॅ कार्यक्रम हांगा सम्पन्न ज़ाल्लॅं,

एक तांतु सौष्ठव, एक शुद्धता, भक्ति, श्रद्धा, सग्ळॅ दिव्य गुण प्रकट ज़ाल्लॅ, मस्त संतोषु ज़ात्तऽस.

आशीर्वचनाचॅं प्रसंगु येत्ता. आम्मी माक्षी दोन तीन फांता जॅ आशीर्वचन दिल्यांती, स्पष्ट उग्डासु ना कल्लॅ उल्लेलॅ म्होणु, ज़ाल्यारी थॉडॅ लोकानीं येव्नु सांग्लँ, आम्का मस्त विषय पट्लॅ म्होणु. आनी दुस्र्यानीं सांग्लॅ, माक्काऽची सांगिल् वारी ज़ाल्लॅ म्होणु.

थोडॅ नियम आस्ताती, सार्वभौम नियम म्हण्ताती साधनेंतु. आम्मी कश्शि प्रगति कर्तात्की, तत् तत् स्तरारी तॅ नियम लागू ज़ाव्चाक सूरु ज़ात्ताति, आनि आम्का – ओ! कळ्ळॅ म्होणु ज़ात्ता. म्होणूऽची शास्त्र, सामान्य एक गीता, श्रीमद्भगवद्गीता, ताज्जॅ चिंतन कर्ताती – पैलॅ केल्लेल् आस्का, एक तीनी वर्सांनी परत कर्तना, अर्थु ज़ाय्नाशिलॅ ताज्जॅ अर्थु ज़ांव्चाक सूरु ज़ाल्या, थॉडॅ विषय कळ्नीशिलॅ ज़ाल्यारी आत्त पळैल्यारी तॅ जीवनांतु लागु ज़ाल्याती. हं? हँ अनिवार्य म्होणु कोळुक सूरु ज़ाल्या. पैलँ कल्लँ ? How can it be possible म्होणु दिस्तालँ. तश्शि साधनेंतु प्रगति ज़ातन् ज़ात्ता, so आशीर्वचने वॅळारी, एकेकफांता पट्ता, आम्मी तँ स्वीकार कर्ताती. ज़ाल्यारी एकेकफांता लोकांक हँ वैं दिस्ता – माक्काऽची सांग्ल्या स्वाम्यांनी – आस्सॉ , दुःखै ज़ात्ता, आत्त दुःख ज़ांव्का म्होणु ना. What I want all of you to know is, I may be addressing you, but I am not targeting you. फरक आस्स तांतु. So आजी लेक्लँ – general व्है, सार्वभौम व्है, ज़ाल्यारी आम्गेल्या ह्या विषयांतु उल्लोवेद म्होणु. म्होणु कॉणै लॅक्का म्होणु ना – हांतु कलै विंगड अर्थु घेंव्का की, म्होणु. मस्तफांता सांगुनु म्होणु आस्का, ज़ाल्यारी, गुरुं प्रति जी भक्ति आस्स, गुरुंगल्या वात्सल्याचॉ बोधु जॉ आनी आनी ज़ात्तस्स, तँ सांग्च्यांतु कलॅ लाज़ ना, पुनरावृत्ति ज़ाल्यारी तांतु दोषु ना.

तुम्मी हांगा सत्संग कर्तऽशिलीं. आम्मी एकु सत्संगु attend केल्लॉ. सत्संगु बरॉऽची. कोर्का. आनी सत्संग म्हळ्यारी केद्ना गुरुंगली महिमेची वर्णन येत्ता, भो बरँ तँ, गुरुंगेलँ ऐश्वर्य कळ्ता. ज़ाल्यारी प्रायः ईश्वरागलँ ऐश्वर्य आनी गुरुंगेलँ ऐश्वर्यांतु फरक

आस्ता. ईश्वरागलँ ऐश्वर्य म्हळ्यारी ऐश्वर्यऽची. गुरुंगेलँ ऐश्वर्य कलैं एकु बोधु दिंव्चाक येत्ता – ताज्जेरी विमर्श कोर्का – हं? So एकु incident, दोन incidents, सात आठ incidents सांगनापडॅ, आम्का चिकॅ दऽणु ज़ांव्चाक सूरु ज़ात्ता. तुम्मी तांतु कलॅ शिक्तऽसती की ना? तँ कळ्नी ज़ाल्यारी कोपु म्होणु दिस्ता. कळ्तऽस वॅ? हं . म्होणुची आमी एक चेतावनी दित्तालीं, मस्त दित्ताली... आत्त चिकेची निरुत्तर कोर्नु सॉळ्यां गुरुंनी. कल्याकम्हळ्यारी, इतलॅ वस्तुतः miracles ज़ात्तऽसती कि ताज्जॅ विषयांतु discuss कोर्नाका म्होणु सांगुक ज़ायना – आनी सग्ळॅ समाजाक कळ्तऽस, एक एक व्यक्तिक न्है. व्है न्है? ज़ाल्यारी तांतु चिकेची सावधानतया व्यवहारु कोर्का, कल्याकम्हळ्यारी... तांतु कल् सांग्चॅ? दृष्टांतु दिंव्का पड्ता – एकु सानु चल्लॉ आय्लॉ. तागेलॉ birthday खईं. आत्त तागेलॉ happy birthday म्होणु cake हाळ्ळँ, cut केल्लँ, ताक्का खावैलँ, सग्ळँ ज़ाल्लँ. मागेरी हांवँ निम्गिलँ – तॉ, तागल् आव्स–बापुसु आनी होड भावु आय्ल् आशिलीं. So how old are you? Seven. बरेंची. तागेलॉ भावु आशिलॉ. ताक्काई निम्गिलँ – How old are you? म्होणु. Nine. म्हणालॉ. हॉ 'आँ ' खईं ( HH Swamiji laughs)

सात वर्सांच़ॉ birthday boy तागेलॉ भावु नव वर्सांच़ॉ म्होणु आय्कनापडॅ अचानक 'आँ ' म्हणालॉ. आरे तू होड मज्पेक्षा म्होणु (HH Swamiji laughs). Small incident, ज़ाल्यारी एकेकफांता तश्शि ज़ात्ता. तुम्मी तुम्गेलॅ अनुभव जॅ आस्सती तॅ व्यक्त कोरुक सूरु कर्ताती, तावळी चिकेची 'आँ ' ज़ात्ता. तँ बरॅ न्है. सावधानतया व्यक्त कोर्का. तांतु कलॅ एक 'सीख' आस्स म्हळ्यारी, ताज्जेरी चिकॅ महत्त्व दीयाती. What have you learnt out of that इत्यादि हं?

तश्शि चिंतन केल्यारी विमर्श ज़ात्ता आनी ईश्वरागलॅ न्है, ईश्वरागली शक्ति अनुग्रहरूपेण येत्तस ती गुरु शक्ति ताक्क् ती मर्याद दिल्लवारी ज़ात्ता. विचार कराती. आनी हांतु वोर्चॅ नाक्का.

So आम्मी सांग्चँ कलँ आजी – विशेष म्हळ्यारी स्वाम्यांगेलँ ऐश्वर्य व्है, आनी हँ विमर्शात्मक कश्शि घेवेद म्होणु.
1997-आंतु, आम्का कलँ गोत्नाशिलँ थाई. स्वामी बस. स्वाम्यांगेलॉ अनुग्रह आस्स हॉ निश्चय, आम्मी आय्ल्यांती शिराली म्हळ्यारी एक त्राहि त्राहि ज़ात्तस व्है, ज़ाल्यारी ती एक बुद्धि स्थिर आश्शिली – तॉ वै गुरुंगेलॉ अनुग्रह. कल्याक? प्रसंगु आय्लॉ – स्वाम्यांगेली निंदा म्होणु ज़ाय्नी, ज़ाल्यारी it was headed towards that.
तावळी आम्का आत्ताशिल् गादी धैर्य नाशिलँ. दाँत अश्शि 'टँ' ज़ात्तालॅ. उल्लोंचाक धैर्य नाशिलँ. मस्त लोकांनी आस्तना, आनी विशेष senior आस्स म्होणु ज़ाल्यारी, but तँ ज़ात्तस म्होण्चॅभितरी – वो मेरे गुरुजी हैं – म्हळँ. बस तित्लेंची – no arguments. ताज्ज् नंतर कलैं arguments ज़ाय्नीती, discussion ज़ाय्नी, कलॅ comments येनीती. पांच़ वर्सां नंतर, बोधू चिकेची आनी जा़य्नापडॅ, आम्मी स्वाम्यांक नमस्कारु केल्लॉ – मेरी लाज राखी – हं? तावळी I could stop it, धैर्य नात्तिल् तावळी सुद्दाई. बस. तॉ एक स्तर म्होणेद.
मागेरी, हँ, तुम्का गोत्तस न्है? हांगाऽसती – ( at the audience) Probably 2003 or 2004, you had come to Shirālī, एकी महिला आय्ली, मुखारी येव्नु बस्ली, रोडुक सूरु केल्लॉ. कल्याक? परिज्ञानाश्रम स्वाम्यांगेल्या विषयांतु कॉणकी अश्शि एक comment केल्लॅ.
तावळी आम्का भयंकर दुःख ज़ाल्लँ. एक दुःख म्हळ्यारी कॉण अश्शि कश्शि केल्लँ म्होणु. दुस्रँ – आम्गेली कल्ली परिस्थिति? मठाधिपति म्होणु हँची आय्कुंका पड्ता न्हवे म्होणु एक additional दुःख.
शांत ज़ाल्ली. 'कल्लँ कोर्चँ?' म्होणु निम्गीतशिली ती – कल्लँ कोर्चँ?
आत्त तुगल्या घारा येव्नु कोणै निंदा केल्या वॅ? कल्लँ कोरेद? तू चा पित्तऽस वॅ? तावळी आप्णागेल्या आंगारी चा पाडोनु घॅ, ओ म्हणी, change the topic, get out- पाप नाक्का. तॉण्डारी घालु वचुनाक्का. दुस्र्यांगेल्या घारा वचुगेल्यारी – you

can always move out, आय्कुनाकाती, प्रोत्साहन दीव्नाकाती, दोष लाग्ताऽची – तँ तावळी आम्मी सांगिलँ.
आत्त हॅं कॉणाचेरी कटाक्ष न्है, आम्गेल्या प्रगतिचँ वर्णन हँ. म्हळ्यारी गुरु दित्तऽसती, गुरुंनॅ दिल्लेल्मिति एकी इत्ली कृतकृत्यता येत्तऽस म्होणुची प्रयत्न हँ , मागेरी सग्ळीची एकी अभिवृद्धि ज़ाव्चच्याक सूरु ज़ाय्नापडॅ एक बरेपणाचॉ अनुभवु ज़ाव्चच्याक सूरु ज़ाय्नापडॅ – बरॅ बरॅ programmes जा़त्तऽसती, मस्त लोक येत्ताती, as you mentioned, non- Bhānaps वै मस्त येत्ताती. होडु एकु कार्यक्रमु ज़ाल्लॉ, मस्त लोकं आय्लीं, आनी it was really good – सग्ळॅ कार्यक्रम पट पट पट इत्लॅ गॉम्टॅ ज़ाल्लॅ – आर्तांतु जात्तातीऽची but पैलॅ, I suppose, around 2005 end आस्तल् तँ or early 2006, विलक्षण ज़ाल्लॅ – आशीर्वचन आनी ज़ाय्नापडॅ, एक one small group came up – आम्का स्वाम्यांगलाग्गी उल्लोंचास्स, we would like to speak to Swāmījī म्होणु. थईंऽची खईंकीची तांका घेव्नु वच़्नापडॅ – I could spare some time. They were also busy and they had to leave- थईंऽची आम्मी मेळ्ळीं. So one of them, a very senior man, a very gentle man, I can say, बरॉ मनुषु – तान्नॅ म्हळँ – we've have been participating in these functions and we are very happy. Then he said- 'I have been associated with Chitrāpur Sāraswats for a long time, for many years. I know what the Math has gone through and I am very happy to see what is going on now.' हाँव म्हळँ, बरेंची म्हळँ. Then he said, 'And Swāmījī, what you have done is fantastic. After that he said- You've brought the community together.' गुरुंगेलॉ अनुग्रहु. परम्परा is working....I was trying to get out of the situation. Then he said- 'Believe me, Swāmījī, You have done what Your predecessor could not do.'
मागेरी तान्नॅ कलॅ म्होणु आस्का, आम्का कळ्ळैं गोत्ना. धड धड सूरु ज़ाल्लॉ, आय्कु यॅना, तांब्डँ तांब्डँ ज़ाव्चाक सूरु ज़ाल्लँ तॉण्ड. आम्मी वचुगेलीं थईंथाव्नु.

मठाधिपति म्हळ्यारी अशीची आस्स lifestyle. आम्का चड़ वेळु मॅळ्ना. Depression-ांतु वच्का म्हळ्यारी सुद्दाईं, एक संकटानंतर depression-ांतु वच्का म्हळ्यारी, दुस्रॅ आनी हॉड येत्ता, परत we have to come out. So तँ काळ्जी कोरुक फुर्सत ना. ज़ाल्यारी रात्ति आम्मी बस्लीं, प्रायश्चित्त केल्लँ, आनी मस्त प्रार्थना केल्ली स्वाम्यांलागीची – एकी निंदा आय्कूंची तुम्गेली, आनि तँ cut कोर्चॅ. दॅवादयेनॅ निंदा आय्कूंचॉ प्रसंगु येने, but खईं उल्लेलँ केल्लेलँ एकेकफांता येत्ता आनी कल्लँ कोर्का म्होणु लोकांक सांग्का पड्ता, ज़ाल्यारी *this*,स्वाम्यांक सांग्लॅ आम्मी, *this* is hitting below the belt. तुम्मी कर्तऽसती. बरँ ज़ांव्का समाजाचँ, मठाचँ. तुम्गेलॉ संकल्पु ज़ात्तऽस but हँ comparison कल्याक आय्लँ हं? अश्शि ज़ाव्नज़शिलॅ, म्होणु मस्त दुःख ज़ालँ. सुमार प्रायश्चित्त केल्लँ. तँ आम्गेलँ कार्य. ज़ाल्लँ मागेरी. थॉडॅ दिव्सानीं विसर्लीं आस्का. चल्तऽशिलँ.
मागेरी एक गुरुज्योतियात्रा आनी सग्ळँ ज़ाय्नापडॅ, थॉड्या म्हैन्यानी आस्का, आम्मी अनुष्ठान कोर्नु सग्ळँ सम्पूर्ण अर्पण कोर्नु बशिलीं खडाव्यां मुखारी, स्वाम्यांगेल्या पादुकां मुखारी, अत्यंत शांत आशिलँ चित्त – हँ सग्ळँ विसोर्नु गेलेलँ – अचानक हॉ प्रसंगु उग्डासु आय्लॉ. म्हळ्यारी, there was no turmoil. तावळी ज़ाल्लेली तॅ हं, एक कल्लँ हँ उल्लेतस हॉ मनुषु – तश्शि कल्लैं ज़ाय्नी – But तँ very vivid एकु उग्डासु ज़ाव्नु राब्लँ. कल्लँ हँ? बस. What about it ? म्होणु – आत्त कल्लँ ? कल्लैंऽना. तावळी कल्लँ ज़ाल्लँ? तावळी मस्त दुःख ज़ाल्लँ, भय दिस्लँ, कल्लँ म्होणु दिस्लँ – अशि कल्लयाक ज़ाल्लँ. कॉणै म्हळ्यारी, हांवँ तँ कश्शि आय्कलँ तँ? म्होणु.
कल्लँ म्होण्काशिलँ इत्यादि. द्वन्द्व आश्शिलँ. आत्त कल्लँ? आत्त कल्लैं ना कल्लयाक? तॉ म्हणालॉ बा. It was a donkey thing to say. But तावळी reaction ज़ाल्लँ न्हवॅ? व्है. कल्लयाक? The only thing that I can say is that there is a lot of donkey in me. That is all. आत्त कल्लँ? Now there is more of You in me, so there is less of donkey now. I don't have to react. व्है न्है? खंच्याक तूं महत्त्व दिंव्का तँ

कळ्ता. He was not a donkey, तॉ बरॉ मनुषु. तान्नॅ पाप तागलॅ statistics, CEO change केल्लॉ, graph वैरी वचुगेलॉ progress-ाचॉ, बरेंची म्होणु म्हण्ता. तश्शि कॉणै उग्डासु कोरुक ज़ात्ता. कॉण चलैतऽस म्होणु आम्गेली गाडी ताक्का गोत्तस वॅ? माक्का कळ्या न्हवॅ? निश्चय ज़ाल्या न्हवॅ? पूरॉ. That is all. तश्शि connection वाडता. कळ्तऽसकी तुम्का? आत्त तुम्गेलॉ विषयु न्है. आम्गेलॉ विषयु उल्लेतसती हं? आम्मी म्होण्चॅ म्हळ्यारी, गुरु आनी आनी तिर्पीताती, tightening the screws म्हण्ताती न्है? पैलँ एक आशिलँ, कल्याईं परिस्थितिंतु हांव आय्कना म्होण्चँ तित्लेंची. आनी कलैं उल्लोंचाक धैर्य ना, बुद्धि ना. मागेरी दुस्र्यांक, सांत्वना दिंव्ची, कशि कोर्येद म्होणु सांग्चँ. तिस्र्या स्तरारी हगूर कोळुक सूरु ज़ाल्लँ – बद हांव कर्ना म्होणु. But निश्चित एकु कलँ अंशु आशिलॉ आस्का – आपणै कर्तऽस म्होणु तँ comparison seriously घेतिल्लँ आश्चाक फावस, घेव्नु आसु फावस. I don't bother. गुरुची कर्तऽसती म्होणु कळ्तऽस. तश्शि, कित्लँ गुरु प्रवेश कर्ता, गुरु काम कर्तऽस म्होणु कळ्ता, तित्ल्या मटाक स्वस्थ ज़ांव्चाक सूरु ज़ात्ता चित्त. कळ्ळॅ न्है? विचार कराती. त्या शक्तिचँ, त्या प्रचण्ड शक्तिचँ आवाहन कोर्का, आनी आम्चांतूऽची. आम्गेलॅ, प्रतिफांता गुरु test कर्तातीऽची, आनी कळ्ता कित्ल्या मटाक उत्तीर्ण ज़ाल्लीं, कित्ली गडबड ज़ाल्ली म्होणु. आनी प्रार्थना कोर्ची – तुम्मी मार्गदर्शन कराती आनी, आनी–आनी शक्ति दीयाती, आनी तुम्गेलॉ आवेशु ज़ावॉ, तुम्गेलँची सग्ळँ ऐश्वर्य म्होणु आनी आनी स्पष्ट ज़ावॉ. मागेरी गम्मती येत्ता हं? म्होणुची अहङ्कारु अर्पणऽची कोर्का पड्ता. अहङ्कारु घेव्नु बैसुक ज़ाय्ना. कुंठित ज़ातलॉ. त्या अहङ्काराक अर्पण कर्तना, तॅ परिपाक हाडोव्नु, गुरु cut off कर्ताती. आनी जँ आवश्यक आस्स, तँ दवर्ताती, कल्याकम्हळ्यारी यावत् शरीरं – शरीर आस्ससरी, गुरु आनी शास्त्र वरेण्य. शास्त्रानुसार गुरु आप्णागलँ कार्य कोरोव्नु घेत्ताती. तँ आम्मी सग्ळीं मेळ्नु कर्तऽसती. व्है कि ना? हं! गुरुंगलँ कार्य ज़ात्तऽस, म्होणु अत्यंत, मस्त, खूशी

ज़ात्ता. आनी कल्लँ सांग्चँ तुम्का? आजी इत्लँ पूरॉ. मनन कराती हं? विचित्र विचित्र परिस्थिति येत्ताती. But उग्डासु दोवोर्नु घेंव्चॉ कि, परीक्षक म्हळ्यारी गुरूऽची, समाज न्है. So गुरुंगेल्या दृष्टिंतु आम्मी fail
ज़ाव्नज़. So तश्शि एकु संकल्पु सुद्दाईं घेत्ल्यारी, इत्ली शक्ति येत्ता, इत्लँ वात्सल्य आस्स स्वाम्यांगलँ, सामर्थ्य म्हळ्यारी साधारणाचॅ न्है. गम्मती येत्ता मागेरी. So तीऽची प्रार्थना कोर्ची शांत ज़ाव्नु – अवस्था शाम्भवी मे अस्तु प्रसन्नोऽस्तु गुरुस्सदा. गुरुंगेली प्रसन्नता केद्दाई माक्का प्राप्त ज़ावॉ म्होणु वैयक्तिक आनी सामाजिक प्रार्थना आम्मी कर्ताती, नाज़ाल्यारी ह्या संसारांथाव्नु उत्तीर्ण ज़ाव्चॅ असम्भव. हं?
But विलक्षण शक्ति आस्स. एक केवल बोधु दित्तलॅ गुरु आस्ताती. एक सामर्थ्य दीव्नु, तैयार कोर्नु, शक्ति–शाम्भव समावेश कोर्नु, उत्तीर्ण करैतलॅ गुरु आस्सती तश्शि स्वाम्यांगेल्या विषयांतु म्होणेद. विलक्षण. So ताज्जॅ आम्मी कल्लॅ? अधिकारी वॅ? अधिकारी म्होणेद. अधिकार we have to develop. At every stage it is tested. ज़ाल्यारी गुरूऽची परीक्षा घेत्तऽसती म्होणु कळ्नापडॅ मस्त आनन्दु येत्ता. खूशी जात्ता. प्रसन्न ज़ात्ता मन.
लोकांक कोळुक सूरु ज़ाल्यां – हँ , सग्ळी कडॅ स्वाम्यांगेली स्तुति ज़ात्तऽस. जॅ पाल्की उत्सव इत्यादि जा़त्तऽसती, ताज्जानॅ कळ्ता.
सम्पूर्ण समाजांतु एक स्वाम्यांगेलॉ आवेशु ज़ात्तऽस. सुप्त आशिलँ, अहङ्कारामिती आस्सॉ, कलैं आस्सॉ, कुंठित जा़ल्लेलॅ, आत्त मर्याद दितऽसती आनी लाभान्वित ज़ात्तऽसती. आनी कॉणॅ स्वीकार केलेलॅ की स्वाम्यांक पैल धोर्नु, तीं आनी आनी धन्य ज़ात्तऽसती – हँ पोळोव्नु अत्यंत एक कृतकृत्यतेचॉ अनुभवु ज़ात्तऽस आम्का – सग्ळँ आम्मी गुरुचरणी अर्पण कर्तसती.
शांत ज़ावॉ मन प्रत्येक साधकागेलँ, आनी गुरुसेवेंतु तत्पर ज़ावॉ. तांतु सग्ळँ प्राप्त ज़ात्ता हो! मागेरी आनी कल्ली प्रार्थना कोर्का म्होणु पऽणा आम्का – हँ ज़ावॉ, हँ ज़ावॉ, हँ प्राप्त ज़ावॉ, हँ दुःख निवारण ज़ावॉ – सग्ळँ तीं पोळोव्नु घेत्ताती –

भुक्ति, मुक्ति प्रदान कर्तलीं, तश्शि तांगेल्या अनुग्रहानॅ आम्मी हांगा सग्ळीं एकत्रित ज़ाव्नु, हॉ कार्यक्रमु सम्पन्न ज़ाल्लॉ. तांतु वै एक आनंद प्राप्त ज़ाल्लॉ. थॉडॅ वांट ज़ाव्नु आसुकफावस, क्लेश ज़ाव्नु आसुकफावस. शिक्षण अवश्य मेळ्यां. सग्ळँ गुरुचरणी अर्पण कोर्चँ, तांगेल्या प्रसादरूपेण जॅ जॅ दित्ताती, स्वीकार कोर्चॅ.
हांगा कलॅ भजन म्होणचॅ आस्स की? विनु माम? तँ तैयार आस्स की ? ( HH Swāmījī speaking to Shrī Vinay Kalyāṇpur asking whether the CD player is ready.)
Star performer आम्गेलॉ (Referring to Stallone, the visually challenged child who is a gifted singer) स्वाम्यांगल्या अनुग्रहानॅ school सूरु ज़ालेलँ, मंकिकर मामु इत्यादि साम्भाळ्तऽसती. तांगेलॅ विद्यार्थी आय्लॅ हांगा. इत्लॅ गोमटॅ कार्यक्रम ज़ालेलॅ. आजी, परऽत आय्ला. चार भजन म्होणु दाकेलॅ न्है?हं! तँ खईं आस्स? कश्शि? हागलॅ नाव कल्लॅ ? Stallone हागलॅ नाव खईं. आस्सॉ.
तुगलँ भजन म्हणी मा! ( HH Swāmījī speaking to Stallone. Stallone speaks and lists the bhajana-s he wants to sing- दुर्गा माँ, त्याचा नंतर गुरु चरणन)
(HH Swāmījī speaking to Vinay Kalyāṇpur and others-) ओ! practice कोर्नु आय्ला तॉ! ताक्का दोनी म्होण्चेस खईं! ज़ाय्द वॅ? म्होण न्है! ताक्का बैसुनु म्होण्चँ आस्स खईं. हांगा बोशेद , हांगा माक्षी करी, हांगा बैसॉ (HH Swāmījī referring to the edge of the stage to the audience's left.)
Stallone sings...
...आई दुर्गा माई ...
... गुरुचरणन मन लागा...
Audience applauds.
HH Swāmījī is informed - तान्नॅ दोनी दिवसांतु practice कोर्नु म्हळॅ.
HH Swāmījī replies- हं! तागलँ नाव Stallone न्हवॅ? आम्मी आपोंचॅ आस्ल्यारी कलैं नवॅ नामकरण कोरेद की? 'स्तवन' म्होणु दवोरेद की, स्तुति कर्ता म्होणु ?
Audience applauds.
(Stavan says 'धन्यवाद!')

HH Swāmījī: स्तवनाक नवी नवी भजन शिक्चेस् खईं. आम्गेलीं इत्लीं भजन आस्सती. सुमार इत्लँ शिक्कुनु, कळ्ता ताक्का. ताक्का कोणै वाचुनु सांग्का. तान्नॅ आय्कलारी बरँ ज़ात्लँ. सग्ळ्या समाजातरफेनॅ हँ ताक्का दिंव्चँ म्होणु केल्या.

(HH Swāmījī gives Stavan a gift. Jai-jaikara-s in the background. The gift is announced- 'CD player!')

HH Swāmījī addressing Stavan: एक minute मा, हं? Quality कश्शि आस्स पळॅ.(CD player is switched on. साधो plays in the background. Stavan sings with it. He had just two days ago asked HH Swāmījī to sing the very same bhajana.)

कल्लँ म्हण्ताती ताक्का? Karaoke! गोम्टँ ज़ाल्लँ मा! आत्त मस्त भजन शिक्केद तूंवँ! Next time म्होण्काती, ज़ाय्द न्हवॅ?

HH Swāmījī addressing Vinay Kalyāṇpur and others : सुरक्षित ठेवा. तँ वीनु मामाक सांग्का. खईं गडबड कोर्नाका म्होणु!

HH Swāmījī addressing Stavan: Very good मा! गोम्टँ ज़ालँ, हं!

HH Swāmījī addressing the audience: लोकांनी मागेरी ताक्का 'स्तवन' म्होणु आपोंका!

आम्मी पय्लॅ गुरु कल्की एक तत्त्व म्होणु लेक्ताती. मागेरी हगूर हगूर कळ्ता 'अहं' म्हळेलॉ अहङ्कारू, ताज्जॉ आधारु सुद्दईं गुरूऽची. म्होणु तॉ अहङ्कारू अर्पण कोरुक ज़ात्ता, नाज़ाल्यारी तँ वीष ज़ात्ता. Actually अहङ्कारू अर्पण कोर्नु सुद्दईं, वीष ज़ात्ता, ज़ाल्यारी तॉ नीलकंठ आशिलमिती तँ वीषै तॉ ग्रहण कोर्नु सोड्ता तॉ गुरु. आनी मागेरी आधारची तूं, तावळी खईं अहङ्कारू, हं? मागेरी तश्शि कळ्ता. स्वस्थ ज़ात्ता चित्त, स्फुरण दित्ताती, आनन्द ज़ात्ता. आत्त आम्गेलँ ज़ाल्लँ. आत्त कल्लँ? ॐ नन्दन्तु साधकास्सर्वे …

सर्वे भवन्तु सुखिनः…

ॐ पूर्णमदः …

***